# दिव्यांग सशक्तिकरण खात्यावतीन नॅशनल पॅरा पेंवपा सर्तीचें आयोजन

ता. 10 ऑक्टोबर 2024

दिव्यांग सशक्तिकरण संचालनालयान 19 ते 22 ऑक्टोबर मेरेन कांपाल पेंवपा तलावांत नॅशनल पॅरा पेंवपा सर्तीचें आयोजन केला. राज्य दिव्यांग आयुक्त कार्यालयाच्या जोड पालवान ह्या सर्तीचे आयोजन करतले.

19 ऑक्टोबराक सकाळी 8.00 ते सांजेची 5.30 वरां मेरेन पॅरा जलतरणपटुंचे वर्गीकरण जातले. 20 ऑक्टोबराक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं खेळां मंत्री श्री. गोविंद गावडे, दिव्यांग सशक्तिकरण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांच्या उपस्थितीत सर्तीचे उक्तावण जातले.

22 ऑक्टोबराक सर्तीचो समारोप जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, खेळां मंत्री श्री. गोविंद गावडे, दिव्यांग सशक्तिकरण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय समारोप कार्यक्रमाक उपस्थितीत रावतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/562

--
-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.